HDFC BANK
We understand your world

वाटपाची तारीख ______________ एलसी कूटसंकेत: ___________ एलजी कूटसंकेत: ___________

# संयुक्त भाडेकारांखातर लॉकर भाड्यान घेवपाखातर करार

| शाखेचें नांव | | शाखा कूटसंकेत | | लॉकर माळ आनी अनुक्रमांक | | चावी क्रमांक: | 1ल्या भाडेकाराचें छायाचित्र | 2ऱ्या भाडेकाराचें छायाचित्र | 3ऱ्या भाडेकाराचें छायाचित्र |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| लॉकराचो आकार | | शाखा शार श्रेणी | | संचालनाची पद्दत | | | | | |
| भाड्याच्या वसुली खातर खातें | | गिरायक आयडी | | माफी % | वेवस्थापन केल्लें गिरायक | ☐ पयलो लॉकर<br>☐ उपरांतचो लॉकर | | | |
| रॅक रेट | | आकारणी करपाचें भाडें | | माफीखातर कारण: | | | | | |

एचडीएफसी बँक लिमिटेड, ______________________________ (शाखेचें नांव) (ह्याफुडें बँक म्हूण संबोधीत केल्ली) ______________ (भाडेकारा(रां)चें नांव आनी नामो ______________________________

(हाचे उपरांत, हाचे मर्दी भाडेकार म्हूण संबोधीत केल्ले)

हांका भाड्यान दिवपाचें मान्य करता, आनी भाडेकार भाड्यान घेवपाचें मान्य करता(त), वेळोवेळीं ताचेसंबंदांतल्या बँकेच्या नेमांच्या आनी हाचे फाटल्यान उल्लेख केल्ल्या अटी आनी शर्तींच्या अधीन, बँकेचो लॉकर क्र. ______________________ (लॉकर), ह्या तारखेपसून ____________वर्सांखातर, ₹ ______________ वर्सुकी भाड्याचेर (हांतुंत उल्लेख केल्ल्या अटी आनी शर्तीं प्रमाण थारायिल्लयाबगर आनी मेरेन,आगाऊ फारीक करपाचें), घेवपाचे मान्य करता(त). लॉकराच्या भाड्याच्या वसुली पास्त उपरोल्लेखित खातें दरवर्सा आगाऊ डेबीट करपाक, भाडेकार बँकेक अधिकृत करता(त). ताचे उपरांत भाडेकार बँकेच्या विवेकाधिकारांत, आनी वेळोवेळीं बँक थारावक शकता अश्या काळांखातर आनी अश्या अटी आनीशर्तींचेर आनी अश्या दरा(रां)चेर आगाऊ भाडें फारीक करून,चालू दवरूंक शकता(त).

नामनिर्देशन: ☐ हय (जर हय, जाल्यार कृपा करून सकयले नामनिर्देशन तपशील भरात) / जर लागू ना, जाल्यार कृपा करून खोडून उडयात

## संयुक्त भाडेकारा(रां) खातर नामनिर्देशन प्रारूप (प्रपत्र एस1A) (संदर्भ घेयात परिच्छेद 1.5.2(i)(a)

बँकिंग रेग्युलेश कायदो 1949च्या कलम 45ZE आनी बँकिंग कंपनीज (नॉमिनेशन) रूल 1985 च्या संयुक्त भाडेकारांवरवीं लॉकरांच्या संबंदांतल्या नेम 2(2) अंतर्गत नामनिर्देशन.

आमीं, ______________________________________________

(नांव आनी नामो)

______________________________________________

(नांव आनी नामो)

______________________________________________फुडल्या व्यक्तीक नामनिर्देशीत करतात ज्याका, आमच्यांतल्या एका वा अदीकांच्या मरणाच्या घडणुकेच्या मामल्यांत, ______________________________

(जंय लॉकर आसा त्या शाखेचें/कार्यालयाचें नांव आनी नामो)

लॉकराचो वापर करूंक दिवंचो आनी लॉकरांतले सामान, ज्याचे तपशील सकयल दिल्यात, आमच्यांतल्या उत्तरजीवी(वीं) वांगडा संयुक्तपणान,काडपाचें स्वातंत्र्यदिवंचे.

| नामनिर्देशीता(तां)चे तपशील | | | |
|---|---|---|---|
| नांव, नामो आनी संपर्क क्र. | भाडेकारा वांगडा नातें | पिराय | नामनिर्देशीताची जल्मतारीख (जर अल्पवयीन) |
| | | | |
| | | | |

पालकाचे तपशील (जर नमनिर्देशीत अल्पवयीन आसा)

______________________________________________

(नांव आनी नामो)

साक्षीदाराचें(रांची) नांव(वां), नामो(मे) आनी हस्ताक्षर@:

@फकत आंगठ्याचो ठसो/ थळाव्या भाशेंत केल्ल्या घोशणापत्राच्या मामल्यांत

नामनिर्देशन: ☐ ना, हांव घोशीत करता की म्हाका एकादें नमनिर्देशन करपाचें ना.

हांव/आमीं भाडेकार हाचें वरवीं, फाटल्या पानार छापिल्लयो अटी आनी शर्ती वाचल्याचें आनी समजल्याचें स्विकारता(त) आनी पुश्टीकरण करतात आनी तांणीं बांदून घेवपाचें मान्य करतात. बँकेन हाचे वांगडा लॉकर क्र. __________ खातरचीचावी क्र. __________, सील केल्ल्या स्थितींत भाडेकारा(रां)च्या सुवादीन केल्या आनी तिच्या प्राप्तीची भाडेकार पोंचपावती दिता(त). ह्याकरारांतलो मजकूर आनी फाटल्या पानार छापिल्लयो अटी आनी शर्ती आनी नेम भाडेकारान(रांनी) वाचल्यात आनी समजल्यात आनी फाटल्या पानार उल्लेख केल्ल्या प्रत्येक कलमा वांगडा सहमत आसा(त) आनी तांचे पालन करपाचें आनी बांदून घेवपाचें मान्य करता(त). तशेंच, करार आनी फाटल्यान तपशीलवार दिल्या प्रमाणच्यो अटी आनी शर्ती हांची एक प्रत भाडेकारा(रां)च्या ताब्यांत आसा.

| अर्जदार | नांव | गिरायक आयडी | हस्ताक्षर |
|---|---|---|---|
| 1लें/लो धारक | | | |
| 2रें/रो धारक | | | |
| 3रें/रो धारक | | | |

सुचोवणी: प्रपत्राचेर हस्ताक्षर करचे पयलीं, सगले सुसंगत विभाग तुमकां समाधानकारक अशे रितीन संपूर्णपणान भरिल्ले आसात हाची खात्री करात.

एचडीएफसी बँक लि. हांचे खातर (अधिकृत हस्ताक्षरकर्तें) ______________________________

तारीख: ____________ सुवात: ____________

# अटी आनी शर्ती

1. सुरक्षीत ठेवघर (सेफ डिपॉझिट व्हॉल्ट) आयतार आनी बँकेच्यो सुट्यो सोडून दर दिसा कार्यालयीन वरांत उक्ते उरतलें. ह्या दिसांनी आनी निर्दिश्ट वेळांत भाडेकारा(रां)क लॉकर वापरपाक मेळटलो.
2. लॉकर वापरपाच्यो वयल्यो वेळो बदलपाचें स्वातंत्र्य बँकेक आसतले आनी तिका योग्य दिसतल्यो अश्यो अटी ती घालूंक शकता आनी ताचेविशीं भाडेकारा(रां)क सुचोवणीं दितली आनी भाडेकार तांणीं बांदून उरतलो(ले).
3. लॉकर वापरपाच्या, भाडेकाराच्या वा ताच्या/तिच्या/तांच्या एजंटाच्या (नेमणूक केली जाल्यार) वळखीच्या संबंदांतले सगले नेम आनी नियमन, जे वेळोवेळीं बँक निर्देशीत करूंक शकता, हांचे भाडेकार पालन करतलो(ले).
4. संयुक्त भाडेकारांत खंयच्याय अंतर्गत विवादाच्या मामल्यांत, लॉकराच्या भाडेकारा(रां)तलो खंयचोय एक लॉकराचें संचालन थांबोवपाची विनवणी करूंक शकता, पुण संचालनाच्या सुचोवण्यांमदीं खंयच्याय बदला खातर, सगल्या भाडेकारा(रां)नी हस्ताक्षरीत केली विनवणी बँकेक सादर करची पडटली.
5. भाडेकार जर लॉकराचें संचालन करपाखातर एकाद्या अधिकृत एजंटाची नेमणूक करपाक सोदता(त), जाल्यार भाडेकारान(रांनी) अशा एजंटाच्या फावरांत एक वकीलपत्र आनी/वा हेर अशे दस्तावेज, जे ह्या हेताखातर बँकेक आवश्यक आसूंक शकतात, हांची अंमलबजावणी करची आनी हो एजंट, वेळोवेळीं ह्या संबंदांत निर्देशित केल्ल्या बँकेच्या नेम आनी नियमनांचे आणि अटींचे पालन करतलो. पुण, अशा एजंटाक लॉकर वापरपाची संद दिल्याखातर बँक खंयच्याय वेळार जापसालदार थारची ना वा खंयचेय उत्तरदायित्व स्विकारची ना आनी लॉकराच्या संचालनाच्या संबंदांत अशा एजंटाच्या सगल्या कृतींपासत, बँकेचेर वा तिचेआड केल्ल्या खंयच्याय आनी सगल्या दाव्यांपसून आनी मागण्यांपसून, भाडेकार बँकेचें हानीरक्षण करतलो(ले) आनी बँकेक हानीरक्षीत दवंरतलो(ले) आनी उपद्रवापसून वाचोवन दवरतलो(ले). तशेंच बँक आपल्या विवेकाधिकारांत अशा एजंटाक लॉकर वापरपाची संद न्हयकारूंक शकता.
6. संयुक्त भाडेकारा(रां)च्या मरणाच्या घडणुकेंत, तांतुंतलो(ले) उत्तरजीवी, कायदेशीर वारस/नामनिर्देशिती हांका लॉकराचें संचालन करपाचो हक्क आसतलो. उत्तरजीवी, कायदेशीर वारस/नामनिर्देशिती बँक थारावंक शकता अशा अटी आनी शर्तींचेर लॉकर ताच्या/तिच्या/तांच्या नांवान(नी) भाड्यार घेवप चालू दवरूंक शकतात वा लॉकरांतल्यो वस्तू काडून घेवन लॉकराची चावी बँकेच्या सुवादीन करूंक शकतात. उत्तरजीवी/नामनिर्देशिती / कायदेशीर वारस हांचेपरस हेर व्यक्तींकडल्यान उपरासपी दाव्यांच्या मामल्यांत बँक उत्तरदायी थारची ना. जर, बँकेच्या नामनिर्देशन नेमां अंतर्गत, लॉकरांतल्यो वस्तू प्राप्त करपाखातर भाडेकार खंयच्याय व्यक्ती(त्तीं)क नामनिर्देशीत करता(त), जाल्यार त्यो वस्तू नामनिर्देशनाच्या सुचोवण्यांप्रमाण वितरीत जातले.
7. जेन्ना आवश्यक आसा तेन्ना लॉकराची अवस्था आनी स्थिती तपासपाक आनी तातूंत दुरुस्ती(स्त्यो) करपाक आनी तशेंच, लॉकराचो वापर हांतुंतल्या अटी आनी शर्तींप्रमाण जाता, हाची खात्री करपाक, बँकेक लॉकर उगडपाची परवानगी भाडेकार दितले. पुण, तांतुंतल्या वस्तूंविशीं बँकेक माहिती आसल्याचें वा तांचेखातर ती जापसालदार आसल्याचें मानचे नात.
8. फुडल्या काळाखातरची मान्य जाल्ली सगलीं भाडीं खरपणान प्रचलीत काळाच्या दिसा वा पयलीं आगाऊ फारीक जातली आनी लॉकराचो वापर करपाची संद मनाय करपाचो हक बँक स्वताकडेन राखून दवरता. भाड्याचें फारीक, मागिल्लें आसले वा नासले जाल्यारूय, करूंनाशिल्ल्या मामल्यांत, बँक अशें भाडें, भाडेकारा(रां)क खंयचोय फुडलो संदर्भ दिल्याबगर, भाडेकारा(रां)च्या बँकेंतल्या खात्यांतल्यान डेबीट करूंक शकता (पुण अशें करपाक ती बांदील ना). जेन्नाय भाडें बँकेक देय आनी फारीक करपायोग्य आसा, तेन्ना उपरोक्त प्रमाण ताचें/तिचें/तांचे खातें डेबीट करपाक भाडेकार हाचेंवरवीं बँकेक अधिकृत करता(त). पुराय तरेन फारीक जायसर, 18% कळंतरासयत, भाड्याची थकबाकी बँकेक तत्काळ देय जातली.
9. लॉकराच्या भाड्याचेर वेळोवेळीं लागू आशिल्ल्याप्रमाण कराची आकारणी जातली.
10. बँकेक सदांच तिच्या सर्वस्वी विवेकाधिकारांत भाड्यांत सुदारणा / वाड करपाचो हक्क आसतलो आनी भाडेकार, बँकेन थारायिल्ल्या अशा तारखेपसून तेंच फारीक करपाक उत्तरदायी थारतलो(ले).
11. भाडेकारान(रांनी) भाड्यान घेतिल्ल्या लॉकराची चावी ताका/तिका/तांका दितले. ही चावी सदांच बँकेची संपत्ती उरतली. मास्टर की सदांच बँकेकडेन उरतली. भाडेकार समजता(त) की लॉकर दोनूय चावयांच्या वापरान उगडप शक्य आसा आनी हांतुंतल्या खंयच्याय एकोड्या चावयेन ना. आनी लॉकर बंद करपाक मास्टर की ची गरज ना. भाडेकारा(रां)क फकत गिरायकाच्या चावयेन लॉकराचें संचालन करपाची परवानगी आसा आनी बँकेन पुरवण केल्ल्या चावयेबगर हेर खंयच्याय चावयेन लॉकराचें संचालन करपाक दिवचे नात.
12. जर भाडेकारा(रां)कडल्यान गिरायकाची चावी शेणली, जाल्यार ताणें/तिणें/ताणीं कळावाबगर चावयेचें शेणप लेखी स्वरूपांत बँकेक कळीत करचें आनी भाडेकारान(रांनी) एफआयआर/ पुलीस कागाळ स्विकृतायेसयत एक हानीरक्षण बँकेक दिल्याच्या आड, भाडेकारा(रां)क एक नवी चावी जारी करूंक शकतात. लॉकर उगडपा/फोडपा खातरचे, शेणिल्ली चावी बदलपाखातरचे, कुलप बदलपाखातरचे सगले खर्च भाडेकारा(रां)वरवीं फारीक करपायोग्य थारतले. लॉकर, कुलप वा चावयेक करपाची गरज आशिल्ल्यो खंयच्योय दुरुस्त्यो फकत बँकेन नेमिल्ल्या कामगारांवरवींच जातल्यो.
13. भाडेकारा(रां)क चत्राय दितात की तांणीं आपल्या लॉकराची गिरायक चावी एकाद्या सुरक्षीत सुवातेर दवंरची आनी ताच्या/तिच्या/तांच्या लॉकराचो क्रमांक आनी/वा तांचो परवलीचो शब्द (पासवर्ड) (जर खंयचोय दिल्यार) हेर खंयच्याय व्यक्तीकडेन उक्तावचो न्हय आनी तशेंच ही गिरायक चावी ताच्या/तिच्या/तांच्या योग्य रितीन अधिकृत केल्ल्या एजंटाभायर (जर नेमणूक केल्या) हेर खंयच्याय व्यक्तीकडेन दिवंची न्हय. भाडेकार गिरायक चावयेच्या प्राप्तीची पोंचपावती दितले आनी ह्या कराराच्या समाप्ती उपरान्त, ती बँकेच्या सुवादीन करतले.
14. लॉकर सुवादीन करपाखातर सगल्या भाडेकारांक अनिवार्यपणान लॉकराच्या शाखेंत हजर आसपाची गरज आसा.
15. भाडेकारा(रां)क लॉकरांत कसलोय संपत्तीचो अधिकार नासतलो, तर फकत वापरप्याचो आनी ह्या कराराच्या निरंतरतायेच्या दरम्यान ताच्या वापराच्या संदीचो आनी हांतुंतल्या अटी आनी शर्तींच्या प्रमाणचो एक अनन्य अधिकार आसतलो. भाडेकार हो/हे लॉकर वा ताचो खंयचोय भाग नियुक्त, हस्तांतरित करचो ना वा पोडभाड्यान दिवंचो(चे) ना(त), तो/ते दस्तावेज, अळंकार वा हेर मोलादीक वस्तू दवंरपाभायर हेर खंयच्याय हेताखातर वापरपाक दिवंचो(चे) ना(त) आनी तो/ते खंयचीय विस्फोटक वा विध्वंसक वा आक्षेपार्ह स्वरूपाची वा बँकेच्या मत्तान उपद्रवी आशिल्ली/थारतली खंयचीय वस्तू दवंरपाक वापरचो(चे) ना(त). ह्या प्रावधानाच्या उल्लंघनाक लागून बँके आड केल्ल्या, जाल्ल्या वा सोंशिल्ल्या खंयच्याय मागणी, दावो, लुकसाण, हानी, मोल आनी खर्च हांचे आड भाडेकार बँकेक हानीरक्षीत करतलो(ले). जेन्ना-जेन्ना बँकेक गरज पडटा, तेन्ना उपरोक्त अटीचें पालन जालां हाची खात्री करपाखातर, भाडेकार तिका लॉकराची तपासणी करपाक दितलो(ले).
16. मागल्यार वा मागनासतना, भाडें आनी हेर खंयचेय देय आनी फारीक करपायोग्य प्रभार फारीक जावंक ना जाल्यार, वा हांतुंतल्या खंयच्याय अटींचें भाडेकारा(रां)कडल्यान उल्लंघन जाल्यार, बँकेच्या एकमेव पर्यायांत, बँकेक भाडेकारा आड आशिल्ल्या खंयच्याय उपायांक बादिकार थारनासतना, लॉकराच्या वापराचे भाडेकारा(रां)चे सगले हक्क जप्त जातले आनी भाडेकारा(रां)च्या निमाण्या खबर आशिल्ल्या नाम्याचेर नोंदणीकृत टपालान परतीची तीस दीस आगाऊ सुचोवणी धाडल्या उपरान्त, हो लॉकर फोडून उगडपाचो आनी तांतुंतल्यो खंयच्योय वस्तू भौशीक पावणेन वा खाजगी करारान विकपाचे आनी थकीत भाडें आनी/वा हेर प्रभार, उपरोक्ताच्या संबंदांतले खर्च, विक्रीच्या येणावळींतल्यान वसूल करपाचे बँकेक स्वातंत्र्य आसतले आनी त्या उपरान्त जर अधिशेश बाकी उपलब्ध आसा वा आनीक वस्तू उरल्यो, जाल्यार बँक अश्यो वस्तू भाडेकारा(रां)क पार्सलान वा हेर जापसालदार मार्गान तांच्या नोंदणीकृत नाम्याचेर वा अशी बाकी फारीक आदेश वा मागणीन ताच्या/तिच्या/तांच्या जोखमीचेर आनी जापसालदारकीचेर धाडूंक शकता वा ती राखून दवरून हेर अश्या लॉकरांत  वा अश्या थकीत भाड्यावांगडा वा खात्यांत ताचेर कळंतर फारीक करपायोग्य नासतना, जशें बँकेक योग्य दिसता तशें दवंरूक शकता. जर लॉकर एका वर्सापरस अदीक काळ संचालीत जायनासतना उरलो, जाल्यार बँक तांच्या एकमेव विवेकाधिकारांत, जरी भाडें नियमीतपणान फारीक जालें, तरीकूय लॉकराचें वाटप रद्द करतली आनी लॉकर उगडटली.
17. खंयचोय पक्ष दुसऱ्या पक्षाक, ज्या तारखेक भाड्याचो मान्य केल्लो कालावधी सोंपता, ताचे तीस दीस पयलीं, हो करार समाप्त करपाच्या अश्या हेतूची आगाऊ लेखी सुचोवणी दिवन हो करार समाप्त करूंक शकता आनी कालबाह्यतेच्या तारखेक वा तिचे पयलीं, भाडेकार लॉकराची गिरायक चावी बँकेच्या सुवादीन करतलो(ले). कराराच्या समाप्तीच्या घडणुकेंत, भाडेकारान पयलींच फारीक केल्ल्या आगाऊ भाड्याचो कसलोच परतावो बँक करची ना.
18. जर उपरोक्ताप्रमाण भाडेकारान(रांनी) कसलीय सुचोवणी दिवंक ना आनी गिरायक चावी परत करूंक ना, जाल्यार लॉकराचें भाड्यान घेवंप हें बँकेच्या पर्यायांत भाड्याच्या मान्य केल्ल्या कालावधी उपरान्त नूतनीकरण करप शक्य आसा, पुण ही अट हाचे दरम्यान बँकेक उपार्जित जाल्ल्या अधिकारांच्या अनपेक्ष आसतली.
19. गंभीर वा आकांताच्या आवश्यकतायेंच्या कारणांक लागून, बँक आवश्यक समजता अश्या काळाखातर ठेवघर (व्हॉल्ट) बंद दवंरपाचो आनि भाडेकारा(रां)क खंयचीय आगाऊ सुचोवणी दिल्याबगर लॉकर वापरपाक मनाय करपाचो आनी/वा भाडेकारा(रां)क कॉल करून तांच्या लॉकरांतल्यो वस्तू तत्काळ काडून घेवपाक सांगपाचो हक्क बँक राखून दवरता आनी ह्या प्रावधानाचें पालन ना केल्यान उपरासूंक शकतात अश्या सगल्या परिणामांखातर भाडेकार जापसालदार थारतलो(ले).
20. ठेवघराच्या दारांच्या वा कुलपांच्या अपेशांतल्यान लॉकराच्या संचालनांत जाल्ल्या कळावांतल्यान घडिल्ल्या वा उपराशिल्ल्या खंयच्याय हानी वा लुकसाणाखातर बँक उत्तरदायी थारची ना.
21. न्यायालयाच्या आदेशांची वा खंयच्याय कायद्यान तिचेभितर निहित शक्ती अंमलबजावणी करतना, लॉकर तोडून उगडपाचो/ वस्तूंची वळेरी करपाचो आनी/वा लॉकराचो आनी तांतुंतल्या वस्तूंचो ताबो खंयच्याय व्यक्ती(त्तीं)क दिवपाचो सर्वस्वी विवेकाधिकार बँकेक आसतलो आनी अश्या परिस्थितींत लॉकराच्या वस्तूंक जाल्ल्या खंयच्याय हानी वा लुकसाणाखातर बँक उत्तरदायी थारची ना.
22. भाडेकारा(रां)च्या नाम्यांतलो खंयचोय बदल, कसल्याय कळावाबगर तत्काळ भाडेकारान(रांनी) लेखी स्वरूपांत बँकेक सुचीत करचो आनी बँकेच्या पुस्तकांत नोंद केल्ल्या भाडेकारा(रां)च्या नोंदणीकृत कार्यालयाचेर टपालान धाडिल्ली कळीताची खंयचीय सुचोवणी ही योग्य रितीन बजावल्याचें मानतले.
23. हो करार चालू आसतना, लॉकरांतल्या वस्तूंचे खंयचेय लुकसाण वा बिगाड वा हानी, मागीर ते पावस, उजो, पूर, भुंयकाप, वीज, नागरी अशांतताय, लडाय, दंगे वा बँकेच्या नियंत्रणांत नाशिल्ल्या हेर खंयच्याय कारण(णां)क लागून आसूं, हांचेखातर बँक जापसालदार वा उत्तरदायी नासतली आनी तशेंच, भाडेकारान(रांनी) लॉकराभायर सोडल्याकारणान ताका सोंसचें पडिल्ल्या खंयच्याय लुकसाणाखातर उत्तरदायी वा जापसालदार आसची ना.
24. हें स्पश्टपणान समजतात की बँक आनी भाडेकार हांचेमदलें नातें भाडेकार आनी भाडें हांचे आसतले आनी बँकर आनी गिरायक हांचे नासतले.
25. लॉकरांतली सगली संपत्ती बँक, हाचे अंतर्गत भाडेकारा(रां)कडल्यान देय सगल्या दुडवांपासत, देय पुण फारीक करूंनाशिल्ल्या सगल्या दुडवांच्या समाधानामेरेन अशी संपत्ती वा तिचो वांटो विकपाच्या, बँकेक एका सादारण धारणाधिकाराच्या अधीन, प्राप्त करून दवंरून घेता.
26. जरी बँकेक तिच्या सर्वस्वी विवेकाधिकारांक योग्य दिसता अशे सगल्यो सादारण जतनायो ती घेतली, तरी लॉकरांत दवंरिल्ल्या वस्तूंक जाल्ले खंयचेय लुकसाण वा हानी हांचेखातर ती उत्तरदायित्त्व वा जापसालदारकी स्विकारना. त्याप्रमाण, भाडेकारा(रां)क ताच्या/तिच्या/तांच्या स्वताच्या कल्याणाखातर बँकेंतल्या लॉकरांत दवंरिल्ल्या खंयच्याय मोलादीक वस्तूंचो विमो काडपाचो सल्लो दितात.
27. भाडेकारा(रां)कडल्यान लॉकर भाड्याचेर घेवपाखातर बँक वेळोवेळीं निर्देशीत करूंक शकतली आनी स्विकारूंक शकतली अशे नेम आनी नियमन हांचे पालन करपाचें भाडेकार मान्य करता(त).
28. भाडेकारा(रां)वरवीं खंयच्याय अटी आनी शर्तींच्या उल्लंघनाकारणान बँकेक करचे/सोंसचे पडिल्ले वा तिचे आड केल्ले/घेतिल्ले कसलेय लुकसाण, हानी, मोल, खर्च, कृती, खटले हांचे आड भाडेकार बँकेक हानीरक्षीत करून सगलो वेळ हानीरक्षीत दवरतले आनी उपद्रवापसून वाचोवन दवरतले.
29. हाचे अंतर्गत उपरासपी सगले मामले / मुद्दे आनी लॉकराच्या भाड्यार घेवपाच्या हेताखातर, हे पक्ष हाचेवरवीं स्वताक भारतांतल्या महाराष्ट्र राज्यांतल्या मुंबयच्या न्यायालयांच्या अनन्य अधिकारक्षेत्राकडेन सादर करतात.
30. लॉकर वाटपाच्या वेळार, भाडेकारा(रां)कडल्यान लॉकराच्या भाड्याच्या फारीका आड तारणाच्या रुपांत, बँक आपल्या एकमेव विवेकाधिकारांत जमा ठेव प्राप्त करतली. बँकेक धारणाधिकाराचो आनी भाडेकारान(रांनी) लॉकराचें भाडें फारीक करूंक ना अशा मामल्यांत, कथीत जमा ठेव समायोजीत करपाचो हक्क आसतलो.
31. आमीं पुश्टीकरण करतात की आमीं ह्या कराराची एक प्रत प्राप्त केल्या.

## फकत कार्यालयीन वापराखातर

| वसूल केल्लें प्रो-रेटा भाडें (₹) | प्राप्त करपाची तारीख:<br><br>सीपीयू कडेन धाडपाची तारीख: | हांणीं अधिकृत आनी सत्यापीत केलें: | एसडीबी क्रमांक: | हस्ताक्षर सत्यापीत (आद्याक्षरां): | लॉकराच्या संरक्षकाचें नांव, हस्ताक्षर आनी कर्मचारी कूटसंकेत | शाखा वेवस्थापकाचें/ बँकअपाचें नांव, हस्ताक्षर आनी कर्मचारी कूटसंकेत |
|---|---|---|---|---|---|---|